25th November 2026 8.40am

नमस्कार! आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवी मनाली प्रभुगावकर तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता.

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी जर्मनीचे राष्ट्राध्यक्ष फ्रेडरिक मेर्झ हांणी, भारत जर्मनी रणनीतीक भागीदारी आनीक घटमुट करपाखातीर आपली वचनबद्धताय उक्तायली.

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी युवकांक ओडीशाच्या समृद्ध अशा, समुद्री दायजातल्यान उर्बा घेवपाचे आवाहन केला.

- गोंयात सुरु आशिल्ल्या ५७व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवात, काल 'क्रिएटीव्ह माईंड्स ऑफ टुमारो'ची सव्वी आवृत्ती उत्साहात संपन्न जाली.

- भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन ते तीन दिसांत केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल वाठारांत व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

- जिनिव्हात सुरु आशिल्ल्या फिडे संवसारीक बुद्धिबळ वस्तादपण सर्तीत, भारताचो डी. गुकेश आनी उझबेकिस्तानच्या जावो-खिर सिंदा-रोव्ह हाचे आडचो, खेळ बादाबाद.

आता पुराय खबरो

PM Germany – 50

संरक्षण, प्रगत तंत्रगिन्यान, वेपार आनी गुंतवणूक ह्या मळार सहकार्य वाडोवपाचेर लक्ष केंद्रीत करून, भारत-जर्मनी रणनिती भागीदारी आनीक घटमूट करपाची आपली वचनबद्धताय प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी जर्मनीचे राष्ट्राध्यक्ष फ्रेडरिक मेर्झ हांणी परतून उक्ताय ल्या. दोनूय फुडाऱ्यांनी फोनावेल्यान संवाद साधली. तातूंत तांणी द्विपक्षीय संबंदांतल्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो आनी दोनूय देशां मदल्या संबंधांचेर समाधान उक्तायलें.

President Bali Jatra – 80

पुर्विल्ल्या दर्यावेल्या वेपाऱ्यांच्या धैर आनी कुशळटायेंतल्यान, देशांतल्या तरणाट्या पिळगेक खूब कितें शिकपाक मेळटा, अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. ओडिशाच्या कटका हांगा बाली जात्रा महोत्सवाक, संबोधीत करतना राष्ट्रपती मुर्मू हाणी, लोकांक भूतकाळांतल्यान प्रेरणा घेवन वर्तमानाक आकार दिवचो आनी उजवाडाचो फुडार घडोवचो, अशें सांगलें. बाली जात्रा हो ओडिशाचो गौरवशाली इतिहास मनवपी एक आगळोच उत्सव. ओडिशाचे वेपारी, वेपार करपाखातीर पयसुल्ल्या देशांनी वताले. वेपारा वरवीं तांणी देशा खातीर जायत्यो म्हत्वाच्यो गजाली साध्य केल्यो, अशेंय राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें.

Amit Shah on Akali Dal – 70

२०२७सात जावपी पंजाब विधानसभा वेंचणुकेच्या फाटभूंयेर, शिरोमणि अकाली दल परतून राष्ट्रीय लोकशाय आघाडींत सामील जाला. भारतीय जनता पार्टी आनी शिरोमणि अकाली दल एकठांय येवन वेंचणुक लडतले. पंजाबच्या उदरगती खातीर दोनूय पक्षांनी वचनबद्धताय उक्तायल्या. ही घोशणा भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी गृहमंत्री अमित शाह हाणी काल, नवी दिल्लींतल्या पक्षाच्या मुख्यालयात केल्या. शिरोमणि अकाली दल परतून राष्ट्रीय लोकशाय युतींत सामील जाल्ल्यान, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी खोशी उक्तायल्या.

Vice President Tukdoji -

उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन आयज नागपूर विद्यापिठांत ‘स्वयंसिध्द राष्ट्रीय परिशद 2026 - विजय: शिक्षणांतल्यान सशक्तीकरणाचो प्रवास’ ह्या दोन दिसांच्या राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण करतले. ह्या परिषदेचे आयोजन राष्ट्रसंत तुकाडोजी महाराज नागपूर विद्यापिठांत केल्ले. बायलां मदीं उच्च शिक्षण, फुडारपणाची कुशळटाय, सुरक्षीतताय आनी अर्थीक आत्मनिर्भरताय वाडोवपाचो, हे परिशदेचो हेत आसा.

भारत आनी नेपाळ – 60

भारत आनी नेपाळ हांणी वेगवेगळ्या मळार सहकार्या खातीर, आठ कबलाती केल्यात. तातूंत भलायकी, पारंपारीक वैजकी वेवस्था, उपग्रह संचारण जाळें स्थापन करप, क्षमता निर्माण करपाचे प्रशिक्षण कार्यावळी, शाश्वत शार उदरगत, शिक्षणीक आनी संशोधन कार्यावळी, तशेंच पशुपालन आनी नुस्तेमारी उदरगत आस्पावतात. नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी नेपाळाचे प्रधानमंत्री बलेंद्र शाह हांचे मदीं उलोवणी जाले उपरांत, ही कबलात जाल्या.

IORA Meet -

इंडियन ओशन रिम असोसिएशनाच्या वरिश्ठ अधिकार्यांच्या समितीची दोन दिसांची बसका, आयज नवी दिल्लींत सुरू जातली. ताचे उपरांत शुक्रारा 25वी, इंडियन ओशन रिम असोसिएश मंत्र्यांची बसका जातली. वांगडी राज्यां मदलो सहकार मुखार व्हरप आनी काय हिताच्या प्रस्नांचेर प्रादेशिक संलग्नताय घटमूट करपाचो ह्या बसकांचो मुखेल हेत आसा.

IFFI – 130

गोंयात सुरु आशिल्ल्या ५७व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवात काल 'क्रिएटीव्ह माईंड्स ऑफ टुमारो'ची सव्वी आवृत्ती उत्साहात संपन्न जाली. मोहक गांधी दिग्दर्शित 'वन लास्ट स्टॉप' ह्या चित्रपटाक 'सर्वोत्कृष्ट चित्रपट' पुरस्कारासयत, पाच लाख रुपयांचे रोख इनाम फावो जाले. तेचप्रमाणे, तमन्ना ठाकूर दिग्दर्शित 'अ लिटल समथिंग' (A Little Something) हे चित्रपटाक उपजैतीवंताचो पुरस्कार आनी तीन लाख रुपयांचे रोख इनाम फावो जाले. मजगती, इफिफित

प्रदर्शित कृषा राऊल दिग्दर्शित 'बापों काले' या कोकणी लघुपटात विस्थापन, प्रतिष्ठा आणि आपलेपणा यांसारख्या विषयांक केंद्रस्थानार दवरला. 'सर्वम माया' चित्रपटाचे निर्माते-दिग्दर्शक अखिल सत्यन हाणी सांगले की, विनोदाच्या माध्यमातल्यान प्रेक्षकांक कथेत गुंतून दवरुक मेळता आणि तातुटले भावनिक खीण अधिक प्रभावी थारतात. तशेच प्रसार भारतीच्या पयल्या 'स्क्रिप्ट पिचिंग लॅब' 'पेज से पिच तक' ह्या उपक्रमात अभिषेक झा हांका पयलो पुरस्कार फावो जालो. सत्य व्यासाक रुप्या पुरस्कार, जाल्यार जितेश ठाकुराक कांस्य पुरस्कार फावो जालो.

Jharkhad Assembly – 50

झारखंड सरकारान आयज विधानसभेचे दोन दिसांचे, खासा अधिवेशन आपयला. तातूंत सत्ताधारी JMMच्या फुडारपणाखालचे युती आनी विरोधी पक्ष, सुधारित खण कायद्याचेर तशेच मतदार वळेरेच्यो सुरू आशिल्ले खासा एस.आय.आर मोहिमीर चर्चा करपाखातीर सज्ज जाल्यात. ह्या अधिवेशनात 'खण आनी खनिज (विकास आनी नियमन) सुधारणा कायदो' फाटी घेवपाविशी, थाराव संमत जावपाची शक्यताय आसा.

Hockey - 60

भोपाळात सुरू आशिल्ल्या बायलांच्या आशियाई चॅम्पियन्स हॉकी ट्रॉफी खेळा सर्तीत काल भोपाळत जाल्ल्या लीग पावंड्यावेल्या खेळात भारतान चायनाक ६ आड २ अशें हारयले. हे सर्तीतलो भारताचे हे सेगित चौथे जैत आशिल्ले. उपांत्य फेरीयेत आपली सूवात भारतान आदीच, निश्चित केल्या. आता भारत आयज आपल्या निमण्या लीग खेळात, जपान पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ सांजे ७क सुरू जातलो.

Chess - 90

जिनिव्हात सुरु आशिल्ल्या फिडे संवसारीक बुद्धिबळ वस्तादपण सर्तीत, भारताचो सद्याचो जैतीवंत खेळगडो डी. गुकेश हांणे उझबेकिस्तानच्या जावो-खिर सिंदा-रोव्ह हाचे आड जाल्लो पयलो खेळ बादाबाद दवरपाक येस मेळयले. खेळाच्या सुरवेक गुकेश दबावाखाला आयिल्लो पूण उपरांत, तांणे बेसबरो खेळ करताना तशेच संयम दाखोवन आपली स्थिती घटमूट केली. वेळेची मर्यादा आसून लेगित, तांणे अचूक चाल खेळून, हो खेळ बादाबाद दवरपाक येस मेळयले. हे सर्तीत एकूण १४ क्लासिकल खेळ जातले. सगळ्यात पयली साडेसात गुण मेळोवपी खेळगडो, हे सर्तीत जैतीवंत थारतलो. जर गुणसंख्या बादाबाद जाली, तर शॉर्टर फॉर-मॅट टाय-ब्रेकवरवी जैतीवंत थारतलो.

हवामान - 90

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन ते तीन दिसांत केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल वाठारांत व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. फाल्यां मेरेन दक्षिण

अंतर्गत, कर्नाटकात गडगड मारपाची दाट शक्यताय आसा. फुडल्या दोन दिसांत हिमाचल प्रदेश आनी पंजाबात दाट धुक्याची परिस्थिती चालूच उरतली. फुडल्या दोन दिसांत उदेंत भारतात, उण्यांत उणें तापमान तीन ते चार अंश सेल्सियसांन ल्हव ल्हव देंवपाची शक्यताय आसा, अशे आयएमडीन सांगला. मजगतीं, आयज राष्ट्रीय राजधानींत चडांत चड तापमान 24 ते 26 अंश सेल्सियस मदीं आसतलें, जाल्यार, उण्यांत उणें तापमान 9 ते 11 अंश सेल्सियस सुमाराक उरपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी जर्मनीचे राष्ट्राध्यक्ष फ्रेडरिक मेर्झ हांणी, भारत जर्मनी रणनीतीक भागीदारी आनीक घटमुट करपाखातीर आपली वचनबद्धताय उक्तायली.

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी युवकांक ओडीशाच्या समृद्ध अशा, समुद्री दायजातल्यान उर्बा घेवपाचे आवाहन केला.

- गोंयात सुरु आशिल्ल्या ५७व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवात, काल 'क्रिएटीव्ह माईंड्स ऑफ टुमारो'ची सव्वी आवृत्ती उत्साहात संपन्न जाली.

- भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन ते तीन दिसांत केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल वाठारांत व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

- जिनिव्हात सुरु आशिल्ल्या फिडे संवसारीक बुद्धिबळ वस्तादपण सर्तीत, भारताचो डी. गुकेश आनी उझबेकिस्तानच्या जावो-खिर सिंदा-रोव्ह हाचे आडचो, खेळ बादाबाद.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!